**जनमत कौलाक लागून गोंयची अस्मिताय राखून उरली**

**ॲड. उदय भेंब्रे आनी संदेश प्रभुदेसाय हांचीं खास व्याख्यानां**

ता. 16 जानेवारी 2025

जनमत कौल दिसा निमतान राजभाशा संचालनालयान उत्तर आनी दक्षीण गोंयांत खासा कार्यावळी आयोजीत केल्यो. दक्षीण गोंयांत केपेंच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या एम. ए. कोंकणी विभागाच्या जोड पालवान 'ओपिनियन पोल: गोंयच्या अस्तित्वाची चळवळ' ह्या विशयाचेर खास कार्यावळ जाली. कोंकणी साहित्यीक आनी विचारवंत ॲड. उदय भेंब्रे हांणी जनमत कौल दिसाच्यो यादी आनी घडणुकांचेर माहिती दिली. ओपिनियन पोल स्वता अणभविल्ले ॲड. उदय भेंब्रे हांणी 1963 ते 1967 मेरेनच्या काळांतल्या म्हत्वाच्या प्रसंगांचेर उजवाड घालो. ह्या दिसाक लागून गोंयचें अस्तित्व राखून उरलें अशें ॲड. भेंब्रे हांणी सांगलें.

ह्या सुवाळ्याक राजभाशा संचालक प्रशांत शिरोडकर, म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. जॉयदीप भट्टाचार्जी, कार्यावळ संयोजक प्रा. दिपराज सातोर्डेकार, कनिश्ठ भाशांतकार स्नेहा सबनीस, बी. ए. कोंकणी विभाग मुखेली डॉ. राखी आमोणकार, प्रा. जोफा गोन्साल्वीस, प्रा. ग्लिनीस डायस, प्रा. शमिका बाळ्ळीकार आनी हेर शिक्षक तशेंच विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

जनमत कौल दिसा विशीं लोकांक सारकी माहिती मेळटली जाल्यार ॲड. उदय भेंब्रे हे योग्य व्यक्ती आनी ह्या दिसा विशीं विद्यार्थ्यांक वळख जावची आनी जागृताय घडची म्हणून दोन कार्यावळी आयोजीत केल्या अशें संचालक प्रशांत शिरोडकर हांणी सांगलें. प्रा. सुशांत नायक हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. प्रा. दिपराज सातोर्डेकार हांणी मानेस्ताची वळख करून दिली. भाशांतरकार स्नेहा सबनीस हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

उत्तर गोंयांत, खांडोळेंच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या कोंकणी विभाग आनी राज्यशास्त्र विभागाच्या जोड पालवान अस्मिताय दिसाची कार्यावळ घडोवन हाडली. हे कार्यावळीक, ज्येश्ठ पत्रकार आनी साहित्यीक संदेश प्रभुदेसाय हांणी जनमत कौलाच्या इतिहासाचेर उजवाड घालो. जनमत कौल ह्या दिसाक लागून गोंयाक स्वतंत्र अस्तित्व मेळ्ळें आनी त्या काळार तरणाट्यांनी खूब मोटें योगदान दिलें अशें संदेश प्रभुदेसाय हांणी सांगलें. आयज गोंयकारांक स्वताचें मत मांडपाक मेळटा तें ह्याच दिसाक लागून अशेंय तांणी मुखार सांगलें.

राजभाशा उपसंचालक अनिल सावंत हांणी प्रास्तावीक उलोवप केलें. प्राचार्य डॉ. पुर्णकला सामंत हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. प्रा. पृथ्वी नायक हांणी सुत्रसंचालन आनी मानेस्ताची वळख करून दिली. प्रा. दिव्या गोवेकार हांणी उपकाराचें उलोवप केलें.

हे कार्यावळीक कोंकणी विभागाचे मुखेली प्रोफेसर प्रकाश वजरीकार, राज्यशास्त्र विभागाची मुखेली प्रोफेसर सीमा साळगांवकार, प्रा. डॉ. रेश्मा खोलकर, प्रा. किरण पालकार, प्रा. निलेश नायक, प्रा. अकबर गदेड, प्रा. डॉ. नवू वरक आनी वेग-वेगळ्या विभागांचे शिक्षक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

दोनूय कार्यावळींनी सुमार 230 विद्यार्थी, शिक्षक आनी सरकारी कर्मचाऱ्यांनी जनमत कौला विशीं जाणून घेतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/62

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.